# नूतन साखरदांडेचें साहित्य अकादेमीच्या भोवभाशीक कविसंमेलनांत प्रतिनिधीत्व

खबरां मेज, पणजी

आंतरराष्ट्रीय मायभास दिसा निमतान साहित्य अकादेमीन आयोजीत केल्ल्या भोवभाशीक कविसंमेलनांत गोंयची नामनेची कवियत्री नूतन साखरदांडे हांणी गोंयचें प्रतिनिधीत्व केलें. ही कार्यावळ नवी दिल्लींतल्या रवींद्र भवनांत घडोवन हाडली.

नूतन साखरदांडे फाटलीं 35 वर्सां सावन कोंकणींतल्यान आपलें बरप करता. एक बरी कवियत्री म्हूण नामाद आसात. 'जीण जाली कस्तुरी' आनी 'पासवर्ड' हे कविता झेलें तशेंच 'तन्मयधूळ' हो अनिवादीत कविताझेलो प्रकाशीत जाल्यात.

तिका कोंकणी भाशा मंडळाचो पुरस्कार, पंचगंगा, बींब पुरस्कार, अखील भारतीय कवियत्री पुरस्कार तशेंच माथायस कुटूंब पुरस्कार अशें साबार पुरस्कार फावो जाल्यात.






साहित्य अकादेमीच्या भोवभाशीक कविसंमेलनांत हाजीर आशिल्ले कवी. कुशीक कविता सादर करतना कवियत्री नूतन साखरदांडे

आंतरराष्ट्रीय मायभास दिसा निमतान साहित्य अकादेमीच्या भोवभाशीक कविसंमेलनाचें उगतावण सकाळीं 10-30 वरांचेर जालें. साहित्य अकादेमीचे सचीव डॉ के श्रीनिवास राव हांणी सगल्या भारतीय भाशांतल्या कवींक आनी उपस्थीत आशिल्ल्या मानेस्तांक येवकार दिलो. दर एका भाशेक आपलें सांस्कृतीक दायज आसता आनी साहित्य अकादेमी दर एका भाशेची राखण करता अशेंय सचीव डॉ के श्रीनिवास राव हांणी सांगलें.

दर एकल्यान आपले भाशेचें संवर्धन करपाक जाय. आपल्या मायभाशेचें म्हत्व भास टिकोवपा खातीर आमच्या मुखार जायतीं आव्हानां आसात. हीं सगळीं आव्हानां पेलून आमी फुडें सरपाक जाय. खंयच्याय भाशेक लिपी ही खूब म्हत्वाची. सद्या बारीक भासो मरपाच्या वाटेर आसात. ही एक विचार करपाची गजाल. ह्या भासांक आमी सगल्यांनी सांबाळून दवरपाक जाय अशें लिलाधर जागुरी हांणी ह्या वेळार सांगलें.

तशेंच नामनेचे ज्येश्ठ पत्रकार राहुल देव ह्या सुवाळ्यांत मानाचे सोयरे म्हूण उपस्थीत आशिल्ले.

इंग्लीश भाशेचो धोको आम्कां अजुनय आसा आनी आमी ताचेर बेगिल्लें बेगीन उपाय काडचो पडटलो. आताचे भुरगीं वाचना कडल्यान पयस वतात. पुस्तकांचें वाचन कमी जाला आनी तें जायत आसा. फुडली पिळगी मातृभाशेंतलें साहित्य वाचतलें काय ना अशी खंत राहुल देव हांणी ह्या वेळार उकतायली.

आमी आमच्या मातृभाशेचो सदांच आदर करूंक जाय. मातृभाशेंतल्यान बरयतना त्यो भावना आपोआप व्यक्त जातात देखून आपलें बरप सदांच चिंतनशील आसूंक जाय. नवे विशय आपल्या मातृभाशेंतल्यान समाजाक दिवंक जाय अशें आपल्या अध्यक्षीय भाशणांत माधव कौशीक हांणी सांगलें.

ह्या भोवभाशीक संमेलनांत जाल्ल्या चारूय सत्रांक बरो प्रतिसाद मेळ्ळो. ह्या चारूय सत्रांची येजमानकी ज्येश्ठ कवी झिन काफ निझाम, कवियत्री वनीता, कवी अझीझ हाजीनी आनी कवी दर्शन दर्शी हांणी केले. ह्या संमेलनांत 27 भारतीय भासांतल्या कवींनी आपल्यो कविता वाचल्यो.

तशेंच गोंयच्यो नूतन साखरदांडे हांणी सुरवेक कोंकणी भाशेंतल्यान आनी उपरांत भाशांतर केल्ल्यो कविता वाचल्यो. तांच्या सादरीकरणाक उपस्थीत आशिल्ल्यांनी व्हड उमेदीन कौतूक केलें.